Akashwani Panaji 29th March 2026 National news 8.40 am

***प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी - नोयडा***

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज उत्तर प्रदेशांतल्या गौतम बुध्द नगर जिल्हयांतल्या नोएडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या पयल्या टप्प्याचें उक्तावण केलें. विकसित यूपी, विकसित भारत मोहिमेंत  हो एक नवो अध्याय आसा अशे  ह्या वेळार उलयतना प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. भारतांत सगळ्यांत चड आंतरराष्ट्रीय विमानतळ आशिल्ल्या राज्यांत उत्तर प्रदेश आतां एक राज्य म्हणून उदेलां अशेंय ताणी म्हणला. जेवर विमानतळ उत्तर प्रदेशाचे प्रगतीचें आनी उदरगतीचें प्रतीक जातले अशी आस्त तांणी उक्तायल्या. हो विमानतळ शेतकारांक, उद्योजकांग, आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांतल्या तरणाट्यां खातीर जायत्यो नव्यो संदी हाडटलो अशें ताणी सांगले

Rajnath 186

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी  सक्रिय आनी समन्वयात्मक पद्दतीची गरजेचेर भर दिलो आनी अस्तंत आशियांतल्या विकसीत जावपी परिस्थितीच्या नदरेन जागृत रावपाचें म्हत्व सांगलें.तांणी  काल सांजवेळा नवी दिल्लींत जायत्या वरिश्ठ मंत्र्यांची स्थापणूक करपी अनौपचारीक मंत्री गटाचे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटना अशें सांगलें. हे बसकेंत केंद्रीय मंत्री निर्मला सीतारमण, हरदीप सिंग पुरी, जे पी नड्डा, जितेंद्र सिंग, के राममोहन नायडू आनी हाजीर आशिल्ले. अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शा उपरांत उर्जा पुरवणेचे  संकष्ठ , गरजेच्या वस्तूंची घरगुती उपलब्धताय, गंभीर मुळाव्या साधनसुविधांचें  लवचीकपण आनी भारताच्या पुरवण साखळीं हांचो नियाळ घेवपा खातीर ही बसका जाल्या अशी म्हायती संरक्षण मंत्र्यांनी दिली. परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरप, मध्यम ते दीर्घकालीन

तयारी पद्दत आपणावप, उंचेल्या पांवड्यावेलो समन्वय सांबाळप आनी बेगीन निर्णय घेवपाची सुनिश्चताये बद्दल मंत्री  सिंग हाणी  बसकेंत सचीवांच्या सशक्त गटांक मार्गदर्शन केलें. सगले धोरणात्मक यत्न समन्वयांत उरचे आनी वेळा प्रमाण चालीक लावचे अशें तांणी भर दिलो. तशेंच भारताची प्रगती लवचीक उरची  हे खातीर सगल्या मंत्र्यां कडल्यान रचनात्मक विचारांची मागणी केली. हे बसके वेळार नागरिकांक अचूक म्हायती प्रसारीत करपाची खात्री करपा खातीर आनी चुकीची म्हायती  प्रभावीपणान आडावपा खातीर सगल्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी एमआयबी व्हॉट्सॲप चॅनलांतल्यान चालू परिस्थिती संबंदीत  म्हायती, घडामोडी आनी सल्लागार वांटून घेवपाचेय निर्देश दिले.

76 akashwani

आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले  . म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 132वो भाग आसतलो. हि कार्यावळ पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, एअर न्यूज संकेतथळ, न्यूजॉन एअर मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातली . तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातलें . आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली .

Pm 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संवसारीक आव्हानां मुखार सामुहीक यत्न आनी राश्ट्रीय एकचाराचो  उलो मारला . अस्तंत आशियांतल्या चालू आशिल्ल्या संघर्शाक लागून निर्माण जाल्ल्या संकश्टाचेर मात करपा विशीं संसदेंत उलयल्यात आनी राज्यांच्या मुखेलमंत्र्यां कडेन सविस्तर चर्चा केल्या अशें तांणी सांगलें. काल उत्तर प्रदेशांतल्या गौतम बुध्दनगर जिल्ह्यांतल्या जेवर हांगा नोएडा आंतरराष्ट्रीय

विमानतळाच्या पयल्या पांवड्याचे उक्तावण केल्या उपरांत उलयतना प्रधानमंत्र्यांनी शांत मन आनी धीर धरून ह्या संकश्टाक तोंड दिवपाचें आवाहन हेच भारतीयांचे सगळ्यांत व्हडलें बळगें अशें म्हणलें. भारत सरकाराचें धोरण आनी रणनिती म्हळ्यार भारतीयांच्या हितांत आनी भारताच्या हितांत वावुरपाचे अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. देशाच्या एकवटीत यत्नांक सगले राजकी पक्ष बळगें दितले असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

***Amit shah***

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज कोलकातांतल्या जोनोगोनर चार्जशीट कार्यावळींत वाटेकार जाले. प्रसार माध्यमांकडेन ऊलयतान अस्तंत बंगालांतल्या बेकायदेशीर स्थलांतर, हिंसा आनी अर्थीक संकश्टाचेर तांणी भर दिलो. अंदूं अस्तंत बंगालचे विधानसभेची सार्वत्रिक वेंचणूक फकत बंगालांत न्हय तर देशाकय खूब म्हत्वाची अशें अमित शाह हाणी स्पश्ट केलें. byte

Goyal 169

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी, भारतांतलें नुस्तेमारी क्षेत्र हो उदरनिर्वाह आनी अन्न सुरक्षेक एक म्हत्वाचो स्त्रोत आसा अशें सांगलें.णव लाखां परस चड नुस्तेमारांक आदार दिता, तातूंत चड करून ल्हान, पारंपारीक आनी कारागीर नुस्तेकार शाश्वत पद्दतींचो अभ्यास करतात. कॅमेरूनांत जाल्ल्या संवसारीक वेपार संघटनेच्या 14व्या मंत्री परिशदेंत नुस्तेमारी अनुदानाचेर मंत्रिमंडळ अधिवेशनांत उलयतना तांणी अशें सांगलें. सोशल मिडिया पोस्टांत मंत्री गोयल हाणी अधिवेशनांत भारताच्या सक्रिय आनी इतिहासीक संवर्धन यत्नांचेर भर दिलो, तातूंत वर्सुकी नुस्तेमारी बंदी सयत न्याय्य उरचो आनी गरीब समाजाचेर

विपरीत प्रमाणांत परिणाम जावचो न्हय ह्या गरजेचेर मंत्री गोयल हाणी भर दिलो. तशेंच संवसारीक वेपार संघटनेच्या परिशदेच्या फाटभुयेर मंत्री गोयल हाणी मोझांबीकाचचे अर्थमंत्री Basilio Zefanias Muhateहांचे कडेन बसका घेतली. बसके वेळार दोनूय वटांनी परिशदेच्या कार्यसूचीचेर विचारांचो आदान-प्रदान केलो आनी दोनूय देशांच्या मुखेल क्षेत्रांतल्यान वेपार आनी गुंतवणूक खोलायेन करपाचे मार्ग सोदून काडले. तशेंच हालींच जायत्या जाणांक परिणाम जाल्ल्या विध्वंसक हुंवाराच्या उपरांत मोझांबीकाक आदार दिवपाची भारताचा यत्नाची जाणीव मंत्री गोयल हाणी करून दिली .

War 90

मध्य उदेंत संघर्श चालू आशिल्ल्यान दुबयंत अमेरिकेच्या लश्करानी दोन सुवातींनी मारपेट केल्ल्याचो दावो इराणान केला. इराणाच्या इस्लामिक रिव्हॉल्यूशन गार्ड्स ह्या सुवातींनी अचूक क्षेपणास्त्रां आनी ड्रोन हल्लो केलो, जातूंत अमेरिकेच्या लश्कराचे 500 परस चड कर्मचारी आशिल्ले. अमेरिकेच्या सेंट्रल कमांडान ह्या दाव्याची तथ्य तपासणी करून दुबयंत खंयच्याच अमेरिकेच्या कर्मचाऱ्यांचेर हल्लो जावंक ना अशें सांगलां. अमेरिके-इझ्राएल युतीक तेंको दिवचो न्हय अशी शिटकावणी इराणी राष्ट्राध्यक्ष मसूद पेझेशकियन हाणी आखाती देशांक दिल्या. अमेरिकेची आनी इझ्राएलाक आपल्या राश्ट्रांतली उदरगत आनी सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपाची आसल्यार इराणाक हल्लो करपाक दिवचे न्हय अशी शिटकावणी तांणी दिल्या.

Nasa 93

नासाच्या Artemis II मोहिमेत वेंचून काडिल्ले चार अंतरिक्षयात्री फ्लोरिडाक पावल्यात , पांच दशकां परस चड काळांत चंद्राचेर पयल्या खलाशींच्या प्रवासाची तयारी निमाण्या पांवड्यात प्रवेश करतात. सूत्रांनी दिल्ल्या महवती प्रमाण नासाचे अंतरिक्षयात्री रीड वाइजमन, व्हिक्टर ग्लोव्हर आनी क्रिस्टीना कोच आनी कॅनडियन स्पेस एजन्सीचे अंतरिक्ष यात्री जेरेमी हॅन्सन हांणी Houston, टेक्सासांतल्यान

नासाच्या केनेडी स्पेस सेंटरांत उडयल्ल्या नॉर्थरॉप टी-38 जेट विमानांतल्यान नासाच्या केनेडी स्पेस सेंटरांत वचून 1 एप्रीलाक नासाच्या उंच अंतरिक्ष प्रक्षेपण प्रणाली (SLS) रॉकेटाचेर अंतरिक्षांत धाडपाक मेळटलें अशे सांगला . मनशाक खोल अंतरिक्षांत व्हरपा खातीर तयार केल्ल्या ओरियन खलाशी कॅप्सूलांत भितर सरतले अशें कळयला .

109

भारतीय हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, पंजाब आनी अस्तंत राजस्थानात वादळा वांगडा गडगड येवपाची शिटकावणी दिल्या आनी orange alert जारी केला . हवामान खात्यान आयज बिहार, ओडिशा, तेलंगणा, उत्तराखंड आनी अस्तंत मध्य प्रदेशात वीज आनी वादळी वारें वांगडा गडगड येवपाचो अदमास उक्तायला . आंध्र प्रदेश, छत्तीसगड, गुजरात, उत्तर प्रदेश, झारखंड, केरळ, माहे, तमिळनाडू पुडुचेरी, कराईकल, मराठवाडा, दक्षिण कर्नाटक, उप हिमालय अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनी आयज अशीच परिस्थिती आसतली. तशेंच फुडल्या दोन ते तीन दीस ईशान्य राज्यांचेर वीज आनी वादळी वारें वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला.फुडल्या 24 वरांत वायव्य भारतात चडांत चड तापमान दोन ते चार अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा.

Sports 30

इंडियन प्रिमियर लीग क्रिकेटाची एकुणिसावी आवृत्ती सुरू जाल्या. काल सुरवातीच्या मॅचींत डिफेंडिंग चॅम्पियन रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू (आरसीबी) हांणी बेंगळुरूंतल्या एम चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर स विकेटींनी जैत मेळोवन आपली मोहीम सुरू केली.